# राज्यपालाकडल्यान ईदाची परबीं

ता. 18 ऑक्टोबर 2021

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून मुस्लीम भावां-भयणांक ईद-ई-मिलादच्या प्रसंगार काळजासावन परबीं आनी शुभकामना भेटयल्यात.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, ईद-ई-मिलाद म्हळ्यार महम्मद पैगम्बराच्या जल्म दिसाच्या शुभ प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक आनी खास करून मुस्लीम भावां-भयणांक काळजासावन परबीं आनी शुभकामना भेटयता. महम्मद पैगम्बर हे मोग, शांतीकाय आनी भावपणाचे प्रेषीत आशिल्ले. महम्मद पैगम्बरान शिकयिल्ली आदर्श तत्वां बरेपण आनी समजीकाय वाडोवपाक एक व्हड शक्त जावन आसा.

ईद-ई-मिलाद मनयताना हांव सगळ्यां भक्तांक भलायकी आनी सुरक्षा शिश्टांचारांक पाळो दिवपाचो उलो मारता.

ईद-ई-मिलादच्या प्रसंगार आमी मानवतेच्या कल्याणाखातीर महम्मद पैगम्बरान शिकयिल्ल्या आदर्श तत्वांचो प्रसार करपाक पुर्नसमर्पित जावया, अशें राज्यपाल संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/862

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji